संवसारांतल्या दरेक रांदचे कुडींत किमान एक उत्पादन भारतीय शेतकारांनी पिकयल्लें आसचें अशी तांची दृश्टी आसा अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलें. शेतकी उत्पादनांची निर्यात, प्रक्रिया आनी विपणनाक चालना दिवन आपलें सरकार हे दिकेन अथक यत्न करता अशें प्रधानमंत्री हांणी सांगलें. 9.8 कोटी शेतकारांक पीएम किसान येवजणेचो 19 वो हप्तो जारी केल्या उपरांत भागलपूरांत जाल्ले भौशीक बसकेक संबोधीत करताले. मखानाचो प्रचार हो हे दिकेनूय एक उपक्रम आसा अशें प्रधानमंत्र्यान सांगलें. मखना मंडळ स्थापन जाले उपरांत संवसारीक बाजारपेठेत निर्यात वाडटली आनी उत्पादकांक उत्पादन, मोल वाडोवप आनी विपणन हातूंत मदत मेळटली अशें तांणी सांगलें. अन्न प्रक्रिया मळार उदेंत भारतांत व्हड तांक आसा, देखून आमी बिहारांत एनआयएफटीएम स्थापन करपाचे आसात अशें तांणी सांगलें. ह्या मळार बिहार फुडाकार आसा अशें मोदी हांणी सांगलें. भारत उदेंतेकडल्यान वयर सरतलो आनी बिहार हो ताचो घटमूट खांबो जातलो अशें प्रधानमंत्र्यान सांगलें. आंब्, टोमॅटो, कांदो आनी बटाटाचो प्रचार करपा खातीर प्रधानमंत्र्यान बिहारांत भागलपूर, मुंगेर आनी बक्सर हांगा तीन नवे उत्कृश्टताय केंद्रांची, 10 हजार वी एफपीओ स्थापन करपाचीय घोशणा केली. ताका लागून शेतकारांचें उत्पन्न व्हड प्रमाणांत वाडूंक शकता आनी आतां मेरेन देशभरांत 30 लाख शेतकार एफपीओंत सामील जाल्यात अशें तांणी सांगलें. महाकुंभ घडोवन हाडपा सारकें दायज सांबाळपा खातीर आनी देशाच्या सोबीत फुडारा खातीर आपलें सरकार वावुरता, पूण विरोधक ताचो बदनामी करपाचो यत्न करता अशें प्रधानमंत्री हांणी सांगलें.

---

शांतताय राखपाच्या मिशनांत बायलांची उपस्थिती तांकां चड समावेशक करता अशें राष्ट्रपती मुर्मू हांणी म्हणलां. शांतताय राखपाच्या मिशनांत बायलांची उपस्थिती तांकां चड समावेशक करता, म्हणटा अध्यक्ष मुर्मू अध्यक्ष द्रौपदी मुर्मू म्हणटा की शांतताय राखपाच्या मिशनांत बायलांची उपस्थिती तांकां चड विविधतायेची आनी समावेशक करता कारण तीं लिंग आदारीत हिंसाचाराचेर फुडो करपाक, विस्वास निर्माण करपाक आनी संवादाक चालना दिवपाक चड सुसज्ज जातात. नवी दिल्लींतल्या राष्ट्रपती भवनांत ग्लोबल साउथ वुमेन पीसकीपर्स परिशदेंतल्या भाग घेवप्यांच्या पंगडाक राष्ट्रपती संबोधीत करतालि. सहभागीक संबोधीत करतना राष्ट्रपतीन नदरेक हाडलें की चड टक्के बायला कर्मचाऱ्यांची चड टक्केवारी असलेली शांतता मोहीम हिंसाचार उणो करपाक आनी दीर्घकाळ तिगून उरपी शांतताय कबलाती साध्य करपाक चड प्रभावी जाल्यात. संयुक्त राष्ट्रांच्या शांतताय राखपाच्या मिशनांत चड बायलांचो आस्पाव करप गरजेचें आसा अशें तिणें सांगलें. “वीमेन इन पीसकीपिंग: अ ग्लोबल साउथ पर्सपेक्टिव्ह” ह्या विशयाचेर जाल्ले परिशदेंत वांटो घेवपाक बायलां शांती सैनिक नवी दिल्लींत आसात. परराश्ट्र मंत्रालयान संरक्षण मंत्रालय आनी संयुक्त राष्ट्र संघटनेच्या शांतताय राखण केंद्र, नवी दिल्ली हांच्या सहकार्यान ही कार्यावळ घडोवन हाडल्या. ग्लोबल साउथच्या बायलां अधिकाऱ्यांक एकठांय हाडून शांतताय राखपा खातीर समकालीन संबंदीत प्रस्नांचेर आनी शांतताय राखपाच्या मोहिमांक येवपी वेगवेगळ्या आव्हानां विशीं चर्चा करपाचो हे परिशदेचो हेत आसा.

---

प्रयागराजांतल्य इतिहासीक महाकुंभचि फाल्यां, महाशिवरात्रिच्या निमतान अधिकृतपणान समप्ति जत्लि. हो प्रसंग दैवी आनी अदभूत असोय करपा खातीर प्रशासनान विस्तारान वेवस्था केल्या. भक्तांची सुरक्षीतताय आनी सोयी खातीर वेगवेगळीं पावलां उबारतात. प्रयागराज जिल्हो दंडाधिकारी रविंद्र कुमार मंडड  हांणी भक्तांची सुरक्षीतताय आनी सोयी खातीर प्राधान्य दितात अशें सांगलें. न्हावपाचे घाट आनी देवळाच्या आवारांत नितळसाणेचेर नेमान नदर दवरतात. ते भायर पुलीस, होमगार्ड, एनडीआरएफ आनी प्रशासकीय पंगड सादूर आसतले, जाका लागून गर्दीचें वेवस्थापन सुटसुटीतपणान करपाक मेळटलें.

संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हांणी कृत्रिम बुध्दी (एआय) तंत्रगिन्यानाचो उपेग करून संरक्षण क्षेत्रांत नवीन संशोधन करणचे आवाहन संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हांणी केले. हिमाचल प्रदेशांतल्या आयआयटी मंडीच्या सोळाव्या स्थापणूक दिसा निमतान उलयतना तांणी संरक्षण क्षेत्र आनीक घटमूट करपा खातीर AI-चालित प्रगतीच्या गरजेर भर दिलो. संरक्षण उत्पादनांत भारत आत्मनिर्भर जावपाक लागला, सुमार 70 टक्के संरक्षण उपकरणां देशांत तयार जातात अशें संरक्षण मंत्र्यान सांगलें. भारतान 2023-24 वर्सा 23 हजार कोटी रुपयांची संरक्षण उपकरणां निर्यात केल्यांत, आनी 2029 मेरेन ती 50 हजार कोटी रुपया मेरेन वाडोवपाचो लक्ष्य आसा असो उल्लेख तांणी केला. फुडल्या वर्सांनी भारत संवसारांतली तिसरी व्हड अर्थवेवस्था म्हूण उबी जातली अशें संरक्षण मंत्र्यान सांगलें.

---

रिझव्र्ह बँक ऑफ इंडियान आर्थिक साक्षरता सप्ताह 2025 सुरू केला.लोकांमचंदी आर्थिक जागरूकता वाढोवपाच्या उद्देशान हो वार्षिक उपक्रम आसा. या वर्सा, "आर्थिक साक्षरता बायलांची समृद्धी" या मथाळ्याखाला ही मोहीम 24 ते 28 फेब्रुवारी मजगती चलता. अरुणाचल प्रदेशात आरबीआय प्रादेशिक कार्यालय इटानगराचे महाव्यवस्थापक अभिषेक मुझुमदार हांणी /इटानगरात डीके कन्व्हेन्शन सेंटरात आयोजित कार्यक्रमात या मोहिमेचो शुभारंभ केलो. यावेळार उलयताना / मुझुमदार हांणी म्हणले की, या वर्साचे थीमीत बायलांक आर्थिक आणि सामाजिकदृष्ट्या सक्षम करपाचेर भर दिला. त्यांनी बँकर्साक गिरायकां मेरेन पावपाकआणि त्यांका सरकार आणि बँकांनी प्रदान केल्ले सगळे डिजिटल वित्तीय आणि बकिंग ॲप्स वापरपाक प्रोत्साहित करपाक सांगले. तशेच या प्लॅटफॉर्मची वापर करताना धोके आणि खबरदारी याबाबत जागरुकता निर्माण करपाकय सांगले. मोहिमेचो एक भाग म्हणून, बँकांक त्यांच्या वेबसाइट्स, एटीएम, Desplay मोबाइल ॲप्लिकेशन्स आणि व्यांच्या फाट्यांनी डिस्प्ले थोडीर RBI-विकसित पोस्टर्स प्रदर्शित करून जनजागृती करपाच्यो सूचना दिल्यात. उक्लावण समारंभाक नाबार्ड इटानगरचे उपमहाव्यवस्थापक संजय मिश्रा आणि वेगवेगळ्या बँकांचे प्रतिनिधी उपस्थित आशिल्ले

---

2030 मेरेन 500 जीडब्ल्यू उर्जेची मोख पुराय करपा खातीर भारतान देशभरांत 50 जीडब्ल्यू नवीकरणीय उर्जा क्षमता जोडपाचें लक्ष्य थारायलां अशें केंद्रीय नवी आनी नवीकरणीय उर्जा मंत्री प्रल्हाद जोशी हांणी सांगलें. केंद्रीय मंत्री जोशी हांणी सांगलें की, 'पीएम सूर्य घर मुक्त वीज' 9 परस चड स्थापन करून एक मार्गदर्शक फातर पार केला. देशाची वट्ट नवीकरणीय उर्जा क्षमता 220 जीडब्ल्यू आसा, तातूंतली 100 जीडब्ल्यू सौर उर्जा आसा

अशें जोशी हांणी भर दिला. फाटल्या दशका सावन नवीकरणीय उर्जे विशीं भारताच्या भौशीक क्षेत्राची वचनबद्धताय उजवाडाक हाडून देशांत सौर आनी पवन उर्जेंत व्हड प्रमाणांत वाड जाल्या, सौर उर्जेची वाड 2.8 जीडब्ल्यू ते 100 जीडब्ल्यू आनी पवन उर्जा 2014 वर्सा 21 जीडब्ल्यू आशिल्ली ती आयज 49 जीडब्ल्यू जाल्या अशें जोशी हांणी सांगलें. केंद्रीय अर्थसंकल्पांत नवीकरणीय उर्जे खातीर 96 हजार कोटी रुपयांची घोशणा केल्या. नवीकरणीय उर्जा निधीचेर राष्ट्रीय कार्यशाळेत मंत्री उलयताले.

---

मानवी हक्कांच्या संवसारीक प्रसार आनी संरक्षणांत भारताची सदांच सक्रीय भुमिका आसा अशें विदेश वेव्हर मंत्रि एस जयशंकर हांणी सांगलां. जिनीव्हांत संयुक्त राष्ट्रांच्या मानवी हक्क मंडळाच्या (यूएनएचआरसी) 58व्या अधिवेशनांत उलोवप करतना जयशंकर हांणी सांगलें की भारताची पद्दत आपल्या भागीदारांच्या प्राधान्यां प्रमाण क्षमता निर्माण करप आनी मनीस संसाधन आनी मुळावी बांदावळ घटमूट करपाचेर केंद्रीत आसा. आतंकवादाक आडावपाक भारत तडजोड नाशिल्लो हाचेर तांणी भर दिलो. भारत सदांच आतंकवादाक शून्य सहिश्णुतायेचि अम्बल्बजव्नि करतलो अशे तांणी म्हणलें . जयशंकर हांणी मुखर सांगलें कि, बहुपक्षीयताय पयलीं परस चड गरजेची आसा पूण सध्याच्या रुपांत न्हय. समकालीन जागतीक वास्तवाचें प्रतिबिंबीत करपी बहुपक्षीय वेवस्थेची स्पश्ट आनी तातडीची गरज आसा अशें तांणी सांगलें.

---

केंद्रीय ग्रामीण उदरगत मंत्री शिवराज सिंग चौहान आयज उत्तर प्रदेशांतल्या नोएडा हाट हांगा सरस आजीविका मेलाचें औपचारीक उक्तावण करतले. कारागिरांक तांच्या उदरनिर्वाहाक आनी समावेशक वदित मदत करपाचो हे मेल्यचो हेत आसा. ग्रामीण उदरगत मंत्रालयान राष्ट्रीय ग्रामीण उदरगत संस्था आनी पंचायती राजाच्या आदारान आयोजीत केल्ल्या फामाद सरस आजीविका मेला 2025 ची ही 5 वी आवृत्ती .